# PANJI REGIONAL NEWS 28 NOV 2025,7.20PM

## गोकर्ण परतागली जीवनोथमा मठाच्या प्रधानमंत्री

गोकर्ण परतागली जीवनोथमा मठाच्या स्थापनेच्या 550व्या वर्साच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, ही संस्था लोकांक दिका दिवपाचें केंद्र म्हणून उदेलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, बदलपी काळ आनी आव्हानां आसून लेगीत गणिताची दिका केन्नाच वचूंक ना. फाटल्या 550 वर्सांत हे संस्थेक काळ आनी युगाचे जायते चक्रीवादळ दिसून आयल्यात अशें तांणी सांगलें.लोकांच्या एकचारांत विक्षित भारताचो मार्ग आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. कितल्याशाच कठीण परिस्थितींक तोंड दिवन लेगीत गोंयान आपली मूळ संस्कृताय तिगोवन दवरलीच पूण काळाप्रमाण ती कायाकल्प केली अशें प्रधानमंत्र्यान नदरेक हाडलें. गोंयच्या कानाकोना लागसार श्री समस्थान गोकर्ण परतागली जीवनत्तम मठ हांगाच्या सरधा पंचशतमानोत्सवांत भक्तांच्या मेळाव्यांत संबोधन करतना तांणी ह्या इतिहासीक मठाची समाजाक टिकपी योगदानाची तोखणाय करून फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणा दिवपी मुल्यां तिगोवन दवरपाचो बुन्याद फातर म्हणलें. हे संस्थेन फकत श्रद्धेचीच न्हय, तर मनीसपणाची आनी संस्कृतायेची राखण केल्या अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. प्रधानमंत्र्यान परतागली हांगा प्रभु श्री राम हांची 77 फूट उंचायेच्या कांस्य पुतळ्याचें अनावरण केलें. तशेंच ताणें नव्या रामायण थीम पार्क गार्डनाचें उक्तावण केलें आनी ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण विकसीत केल्ल्या भगवान रामाक समर्पीत केल्लें 10 हजार चौखण फूटांचें संग्रहालय उक्तें केलें. श्री मोदी हांणी फुडें सभाक संबोधीत करचे पयलीं एक खाशेली टपाल शिक्को आनी यादस्तीक नाणें सोडलें.

## महोत्सवाच्या 56व्या आवृत्तीचो समारोप

भारताच्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 56व्या आवृत्तीचो समारोप सुवाळो आतांच सुरू जाला. सिनेमा मनयलेले णव जादूचे दीस आयज रातीं नखेत्रांनी भरिल्ल्या सुवाळयान कळसांत पावतात. मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ एल मुरुगन महोत्सव संचालक शेखर कपूर हांचे वांगडा ह्या भव्य सुवाळ्याक हाजीर आसात. ह्या सिनेमांक इत्सा आशिल्लो गोल्डन पीकॉक पुरस्कार, सिल्वर पीकॉक पुरस्कार आनी आयसीएफटी-युनेस्को गांधी पदक दितले. इफ्फी २०२५ वर्सा ८१ देशांतले २४० वयर चित्रपट दाखयले आनी जपान हो कंट्री ऑफ फोकस, स्पेन हो भागीदार देश आनी ऑस्ट्रेलिया हो चर्चेचो देश.

**सभापती श्री गणेश गावकर**

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री गणेश गावकर हांणी हांलीच बार्बाडोसातल्या ब्रिजटाऊन हांगा जाल्ल्या 68 व्या राष्ट्रकुल संसदीय परिशदेत भाग घेतलो. "द कॉमनवेल्थ-अ ग्लोबल पार्टनर" ह्या विशयाचेर आयोजीत ह्या संवसारीक परिशदेत आधुनिक आव्हानांचेर चर्चा करपाक आनी लोकशाय संस्था मजबूत करपाचे मार्ग सोदपा खातीर वांगडी राष्ट्रांचे संसदीय फुडारी, तज्ञ आनी प्रतिनिधी एकटाय आयिल्लें.

सभापती श्री गावकर हांणी राष्ट्रकुल संसदीय परिशदेतल्या चर्चेविशी म्हायती दितना सीपीसीत जाल्ली चर्चा वेव्हारिक, दूरदृष्टी आशिल्ली, गैर-राजकीय, लोककेंद्रित आनी प्रादेशिक गरजांक अनुकूल अशा पद्धतीन प्रशासन सुदारपाचेर केंद्रित आशिल्ली. चर्चेतले विशय गोंया खातीर उपेगी आनी भौशीक सेवा वितरण आनी कायदेशीर वेव्हारात सुदारणा घडोवन हाडपाक उपेगी थारपाक शकता.

परिशदेत वाटेकार जाल्ल्या प्रतिनिधींनी मजबूत संस्था ही विश्वासार्ह प्रशासनाची बुन्याद आशिल्लयाचे मत मांडले. कामाची मोलावणी, सदस्यां खातीर सुदारीत मजत वेवस्था, नवनिर्वाचित प्रतिनिधीं खातीर दर्जेदार प्रशिक्षण सुविधा ह्या सारख्या धोरणांचेर चर्चा केली. हे मुद्दे लक्षात घेतल्यार गोंयच्या विधानसभेतल्या प्रस्नांचेर आवश्यत संशोधन आनी सचिवालयीन सेवा मजबूत केल्यार आमदारांक कामकाजातल्या विशयाचेर उलोवपाक बरी तयारी करपाक, मुद्देसूद प्रस्न विचारपाक आनी धोरण थारावपाक प्रभावीपणान योगदान दिवपाक मजत जातली.

**फाल्यांच्यान जोडणी तोडपाची कारवाय सुरू जातली**

अडचणीच्या सुवातेवेले वीज मीटर काडून ते सोयीच्या सुवातेर हाडपाच्या नोटिसीक फकत 35 टक्के वीज गिरायकांनी प्रतिसाद दिला. नोटीशे प्रमाण स्थलांतरणाची मुजत आयज शुक्रारा सोंपील्ल्यान फाल्यां शेनवार सावन कारवाय सुरू जातली, अशी म्हायती वीज खात्याचें अधीक्षक अभियंते मयूर हेदे हांणी दिलीअडचणीच्या सुवातेर 38 हजार घरगुती वीज मीटर आशिल्ल्याची म्हायती खात्या कडेन आसा. हाचे मदले 12 हजार मीटरांचे स्थलांतरण जालां. जे कोणें स्थलांतरण करूंक ना, तांची वीज जोडणी तोडपाची कारवाय सुरू जातली, अशें अधीक्षक अभियंते मयूर हेदे हांणी सांगलें. काय जाण मीटराचे स्थलांतरण करपा खातीर 6

म्हयन्यांची मुजत आयज 28 नोव्हेंबराक सोंपता. त्या, त्या विभागाचे अभियंते नोटीशी प्रमाण कारवाय सुरू करतले, अशी म्हायती अधीक्षक अभियंते मयूर हेदे हांणी दिली.

**सेवानिवृत्ती फोटोग्राफर सिल्वेस्टर**

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे ज्येश्ठ फोटोग्राफर सिल्वेस्टर ईस्तिबेरो हांका सेवानिवृत्ती निमतान खात्याच्या कर्मचाऱ्यांनी आयज निरोप दिलो. सिल्वेस्टर ईस्तिबेरो हांणी म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यात 37 वर्सां सेवा दिली.म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यात ब्रोमायड प्रिंटर ते ज्येश्ठ फोटोग्राफर म्हूण सेवा दितना तांणी तीन सेंट फ्रान्सीस झेवियर प्रदर्शनां, लुसोफोनीया सर्त, ब्रिक्स् अशां म्हत्वाच्या कार्यक्रमांचे छायाचित्रण केला. छायाचित्रण पत्रकारीतेतल्या योगदाना खातीर फोंडा पत्रकार संघ, अत्रूज पत्रकार संघ आनी केपे-सांगे पत्रकार संघान पत्रकार मित्र म्हूण तांचो भोवमान केला.

खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी सिल्वेस्टर ईस्तिबेरो हांणी खात्याक दिल्ल्या सेवेची तोखणाय करून तांका फुडल्या जीणेखातीर परबीं दिली.म्हायती अधिकारी ऑल्विन परेरा आनी हेर कर्मचाऱ्यांनीय तांका निरोगी आनी दीर्घायुश्या खातीर परबीं दिली.

**बोरी पूल**

दुरूस्ती कामाखातीर बोरी पूल शेनवार ता. 29 नोव्हेंबर दिसा सकाळी 8.00 ते आयतार ता. 30 नोव्हेंबर 2025 दिसा सकाळी 8.00 वरा मेरेन फोंडा वटेनच्यान अवजड वाहनां खातीर बंद आसतलो. तशेंच शेनवार ता. 6 डिसेंबर दिसा सकाळी 8.00 ते आयतार ता. 7 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 8.00 वरा मेरेन मडगांव वटेनच्यान बोरी पूल अवजड वाहनां खातीर बंद आसतलो. पूल बंद काळात फोंडा-मडगांव आनी मडगांव-फोंडा मार्गांवयली येरादारी उपलब्ध मार्गान वळोवपात येतली.